**<u>श्रीधरन पिल्लई हांका गोंयच्या राज्यपालपदाचो सोपूत</u>**

ता. 15 जुलय 2021

गोंयचें नवे राज्यपाल म्हुण श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज सोपूत घेतलो. राजभवनाचेर जाल्ल्या सोपूतविधी सुवाळ्यात मुंबय उच्च न्यायालयाचे मुख्य न्यायाधिश दिपांकर दत्ता हांणी पिल्लई हांका राज्यपालपदाचो सोपूत दिलो.

मुखेल सचीव श्री. परिमल राय हांणी राष्ट्रपती श्री. रामनाथ कोविंद हांणी जारी केल्ल्या नियुक्तीपत्राचे वाचन केले.

सोपूतविधी सुवाळ्याक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. राजेश पाटणेकर, उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर, केंद्रीय बंदर आनी पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक,भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे, पंचायतमंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो, महसुलमंत्री श्रीमती जेनिफर मोन्सेरात, भौशीक बांदकाममंत्री श्री. दीपक प्रभू पाऊसकर, बंदरांमंत्री श्री. मायकल लोबो, विरोधी फुडारी श्री. दिगंबर कामत, आमदार, उच्च न्यायालयाचे न्यायाधिश, सरकारी सचीव, पुलीस म्हासंचालक आनी हेर वरिश्ठ अधिकारी उपस्थित आशिल्ले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/595

--
Issued by Department of Information & Publicity